आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date :13 /05 /2025 .20 पीp m

RASHMI 100

OPERATION SINDHOOR वरवी पाकीस्तानांक चोख उत्तर दिवपी भारतीय लश्कर, नौदळ तशेचं वायु सेनाच्या कार्याची तुस्त करपी तिंरगा रॅली आनी सिंदुर यात्रा आयज भाजपावतीन पर्वरे विद्या प्रबोधिनी हायस्कुल ते शिवाजी चौक मेरेन आयोजित केल्ली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, भाजप प्रदेसाध्यक्ष दामोदर नायक, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, तशेचं भाजप कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशिल्ले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे आकांतवाद हुमटोवन उडोवपाखातीर भारताकडे तत्पर आसात. भारत देसाकडे घटमुट अशी सेना आसा, पाकीस्तान ओक्युपायड काश्मिर भारत परत मेळयतलेच, जाल्यार पाकीस्तानाच्या हल्याक भारत चोख उत्तर दितले असो विस्वास ह्यावेळरा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

120

गोंय पर्यटनाच्या वेगवेगळया जाळवणदारांकडे आयज पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी बसका घेतली. पहलगाम हल्या उपरांत पर्यटन मळांची सध्याची स्थितीचो नियाळ ह्यावेळार मंत्र्यान घेतला.

जानेवारी ते मार्च 2025 म्हयन्यात विदेशी आनी देशी पर्यटकांचो बरो आकडो वाडला, पोरु परस अंदु रशियन पर्यटकांचो आकडो चड आसा अशीय म्हायती ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.तशेंच मिजल इस्ट आनी यु.ए. इ च्या नागरीकांक मन्सुन पर्यटनाखातीर आर्कर्शित करपाक पर्यटन खाते भर दितले अशे रोहन खंवटे हांणी म्हणला

पहलगाम हल्या उपरांत देशातल्या हेर पर्यटनाप्रमाण गोंयच्या पर्यटनाचेंर लेगीत परीणाम जाला , ही परीस्थिती नियंत्रणात हाडपाक आयच्या बसकेत चर्चा जाली अशी म्हायती मंत्री खवंटे हांणी दिल्या.

.गोंयांत मन्सुन पर्यटनाक उर्बा दिवपाच्या नदरेतल्यान तशेंच पर्यटन मळार मेळपी बेकायदेशीर टावट्स, टॅक्सी, हेडगी गोरवा, कोयर वेवस्थापन, हेडगी कुत्र्याचो प्रस्न सुटावो करपाक लेगीत ह्यावेळार चर्चा जाली.

150 रश्मि

शिरगांवा चेंगरीचेंगरी विंशी सरकारान महसुल सचिव संदिप अध्यक्षतायेखाला नेमिल्या समितीन दोन दिसा पयली चेंगराचेंगरी जावपाच्या कारणाचो फेक्ट पायम्डींग अहवाल सराकराक दिला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. अशिर रस्तो, गरजेपरस
चड स्टोलांक पंचायतीन दिल्ले परवाने, गर्दी नियंत्रणात दवरपाकातीर योग्य पावला
उबारुक नाशिल्यान, पुलिसांचे एका मेकांकडे नाशिल्लो संपर्क, तशेचं कांय धोणांची बेशिस्तपणाक लागुन शिरगांवा जात्रेक चेंगराचेंगरी जाली अशी म्हायती ह्या अहवालात मेळ्या अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. प्रथा आनी परंपरा सामाळुन फुडारात राज्यात चड भाविक येवपी सण , तशेच जात्रा आनी धर्मिक हेर सुवाळ्यावेळार खासा भारतीय न्याय संसहिता काय्द्यावरवी खासा माग्रदर्शक तत्वा सराकर चालीक लायतले. हे शिवाय अशा वेळार सीसीटीव्ही, वोच टावरवरवी देखरेख दवरतले, जे अधिकारी हे खातीर जवाबदार आसात तांका कारणा दाखया नोटीस काय दिसानी धाडयले, फुडल्या जात्रेमेरेन अशिर रस्तो रुंद करतले, तशेचं फुडल्या जात्रे पयली धोणांची तळी ते होमखण मेरेन रस्तो राखीव दवरतले, थंयच्यार हेर भाविकांक यो वच करपाक मेळची ना अशी
म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

सावंतवाडी अर्बन सहकारी बँकेचें यशस्वी विलीनीकरणा वांगडाच टीजेएसबी सहकारी बँकेन आपल्या 150व्या शाखेचें भव्य उक्तावण करून म्हत्वाचो मार्गदर्शक तत्वांचेर पावल्या. ह्या रणनिती विस्ताराक लागून बँकेची सेवा क्षमता आनीक घटमूट जाल्या आनी बँक आपल्या वाडत वचपी गिरायक आदाराक चड मोल-जोड सेवा दिवपाक तयार आसा.

ही विलीनीकरण प्रक्रिया भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण चालीक लायल्या आनी सहकारी बँकींग क्षेत्र घटमूट करपा खातीर रिझर्व्ह बँकेन सुचयल्लो धोरणात्मक उपाय म्हणून हें विलीनीकरण केलां. रिझर्व्ह बँकेन 9 मे 2025 दिसा आपल्या संकेतथळार अधिकृत प्रेस विज्ञप्तींत ही म्हायती दिली.टीजेएसबी सहकारी बँकेन पांच राज्यांतल्या पारदर्शक आनी प्रभावी बँकींग पद्दतीच्या बळग्यार हें विलीनीकरण येसस्वीपणान पुराय केलां.

पुराय नियामक प्रक्रिया पुराय केल्या उपरांत सावंतवाडी अर्बन कोऑपरेटिव्ह बँकेचे सगले णव फांटे मंगळारा, 13 मे 2025 सावन टीजेएसबी सहकारी बँकेचे शाखा म्हणून कार्यरत जाल्यात.ताका लागून टीजेएसबी बँकेच्या शाखांचो आंकडो 149 वयल्यान 158 जाला. हाचे वांगडाच सावंतवाडी अर्बन कोऑपरेटिव्ह बँकेचे सगले कर्मचारी टीजेएसबी बँकेंत पुरायपणान एकठांय केल्यात.

टीजेएसबी सहकारी बँकेचे अध्यक्ष श्री शरद गंगाल हांणी म्हणलें, हें विलीनीकरण फकत विस्तार न्हय, सहकारी बँकींग क्षेत्रांतय आमची उपस्थिती वाडयतात.सिंधुदुर्ग जिल्ह्यांत आनी कोंकण वाठारांत आमचो विस्तार आतां बळिश्ट जाला.ह्या प्रदेशांतल्या नागरिकांक, वेवसायीक आनी उद्देजकांक बरी बँकींग सेवा दिवपाक आमी कटिबद्ध आसात, हें पावल आमकां समावेशक अर्थीक मळार मुखार व्हरतलें विकास."

"आमी सदांच सगळया भागधारकांच्या फायद्या खातीर टिकावू वाडचेर विस्वास दवरतात. सावंतवाडी अर्बन को-ऑपरेटिव्ह बँके कडेन जाल्ल्या विलीनीकरणाक लागून आमचें सहकारी बँकींग नेटवर्क आनीक घटमूट जालां. आमच्या गिरायकांक बरो बँकींग अणभव दितनाच अर्थीक स्थिरताय आनी सोयी मदीं समतोल दवरप हो आमचो हेत आसा."

105

नामनेचे संगीतकार पंडीत योगराज नायक प्रतिश्ठान आनी गोंय कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे जोड पालवान पंडीत योगराज नायक हांचे यादस्तीक स्वरयोगी ही संगीत कार्यावळ फाल्यां १४ मे २०२५ दिसा जातली.ही कार्यावळ सांजवेळां ५.३० वरांचेर पणजे पाट्या वयल्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या संस्कृती भवनातल्या भोव उदेशी सभाघरांत जातली.नामनेचे तबलापटू पंडीत तुळशिदास नावेलकार हें कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले जाल्यार कला आनी संस्कृती खात्याचे अधिकारी सगुण वेळीप हें खाशेले सोयरे म्हण हाजीर रावतले.पंडीत योगराज नायक यादस्तीक संगीत कार्यावळींत विनायक चित्तर हांचें सितार वादन जातलें तांकां तबल्याचेर साथ मयंक बेडेकर हांची लाभतली.हे वेळार सितार वादक सर्वेश राणे आनी तबलापटू गोरख सावंत हांकां शिश्यवृत्ती भेटयतले.पुराय कार्यावळीचें सुत्रसंचालन दुर्गा प्रसाद जोग करतले.

साखळी पालिका वठारात पावसा आधीच्या कामाक साखळी पालिकेतर्फे नेटान सुरुवात केली आसा. दर वर्सा साखळेच्या वाळवंटी नदीक येवपी हुंवाराक लागून साखळी बाजार वाठारातल्या सकयल्या

भागातल्या प्रश्नांक लागून येवपी हुंवार सदृश्य परिस्थिती नियंत्रणात हाडपाक पालिकेत पूर प्रतिबंधक योजना तशेच पावसा आदीचीं कामां करपाक सुरुवात केल्या. या कामात पालिकावाठारातली गटारां उसपप, चिखल साचून हुंवर परिस्थितीत भरपट्टा ते व्हाळ मशीनच्या माध्यमातून साफ करून घेवप तसेच पालिका वाटारात अशील्यो बायों साफ करप, येरादरीक आडमेळीं हाडपी झाडां कट करप अशी वेगवेगळी कामा करपाक सुरुवात झाल्या. सध्या साखळच्या पालिका मैदाना लागसर आशिल्या वाळाची साफसफाई करपाक सुरुवात झाल्या कारण दर वर्षा याच वाळातलो चिखल आणि हेअर घाण हाका लागुन साखळी पालिका मैदान तसेच कदंबा बस स्थानक वाटर पावसाच्या दिसांनी उदक तुंबून रविल्यान पुर सदृश्य स्थिती निर्माण जाता .अंदु साखळे पालिकेतर्फे पावसा आधीची सगळीं कामा पुराय जावपाक पावल्या अशी माहिती नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हाणी दिल्या.

आंतरराष्ट्रीय गणित ऑलिंपियाड सर्तीत गोंयंकार शालेय विद्यार्थ्यांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जांवचे अशे आवाहन गोवा राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन केला. गणित ऑलिंपियाड फावंडेशन ही सरकारी नोंदणीकृत शिक्षणीक संस्था ही सर्त घडोवन हाडटा. राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार १ ली ते १२ वी मेरेनच्या मेरेनच्या सगळया विद्यार्थ्यांक आंतरराष्ट्रीय गणित ऑलिंपियाड २०२५ सर्तीत वांटो घेवक मेकळीक आसा. ही परिक्षा नॅशनल काउन्सिल ऑफ एज्युकेशनल रिसर्च अँड ट्रेनिंग म्हळयार एन.सी.ई.आर.टी.न दिल्ल्या अभ्यासक्रमाचेर आदारीत आसतली.

गणिताच्या मळार विद्यार्थ्यांक आपलें गिन्यान आनी कुशळटाय मोलावपाक आव्हान दिवपी ही एक प्रतिश्ठीत सर्त. ही परीक्षा दिवपी विद्यार्थी गणितीय संकल्पना नेटान समजून घेतले आनी फुडल्या स्पर्धात्मक परिक्षेची तयारी करपाक शिकतले अशी आस्त आसा. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२०त स्पश्ट केल्ल्या प्रमाण शिकपाचे परिणाम मतींत दवरून हो नमुनो तयार केला.

सर्तीत वांटो घेवपी सगळया यशस्वी विद्यार्थ्यांक सहभाग प्रमाणपत्रां दितले आनी उत्कृश्ट कामगिरी करपी विद्यार्थ्यांक योग्यतायेचें प्रमाणपत्र आनी पदकां दिवन भोवमान करतले. शाळा पांवड्यावेली ही सर्त ६ आनी २७ ऑक्टोबराक तशेच १२ आनी २५ नोवेंबर २०२५ ह्या दिसांनी जातली.

नैऋत्य मौसमी पावस आयज दक्षिण बंगालच्या खाडी, अंदमान दर्या, आनी निकोबार जुवे दर्याच्या कांय वाठारांनी फुडें सरला. फुडले तीन-चार दीस मौसमी पावस मुखार सरपाखातीर परिस्थिती अनुकूल आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां . फाल्यां मेरेन मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयांतल्या काय सुवातेर गडगड आनी जोगला सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला ईतले मजगतीं हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३५.5 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान२8 अंश सेल्सियस नोंद जालां.फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान

३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान २७ अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे  मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार